PANAJI NATIONAL 7 April 2026 AT 8.40 AM

- उपराष्ट्रपती आणि राज्यसभा अध्यक्ष सी. पी. राधाकृष्णन यांनी राज्यसभेच्या १९ नवनिर्वाचित सदस्यांक सोपुत दिलो.
- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सेगीत तिसरे खेपे भाजपा आसामांत सरकार घडोवन हाडटलो असो विस्वास उक्तायला
- भारतीय लष्करान नवी दिल्लीत मानव रहित हवाई प्रणाली (Unmanned Aerial System) आणि लोइटरिंग म्युनिशन्स (Loitering Munitions) खातीर एक तंत्रज्ञान आराखडो सादर केला
- आसाम, केरळम आणि केंद्रशासित प्रदेश पुदुचेरीतल्या विधानसभा वेचणुकांचो प्रचार आज सांजे सोपता.
- आयपीएल क्रिकेटीत राजस्थान रॉयल्स आणि मुंबई इंडियन्स या मदलो खेळ गुवाहाटी हांगा बरसापारा क्रिकेट स्टेडियमाचेर सांजे ७:३० क जातलो.

VP

उपराष्ट्रपती आणि राज्यसभा अध्यक्ष सी. पी. राधाकृष्णन यांनी राज्यसभेच्या एकोणीस नवनिर्वाचित सदस्यांक सोपुत दिलो. केंद्रीय राज्यमंत्री रामदास आठवले आणि राष्ट्रवादी-अनुसूचित जाती पक्षाचे ज्येष्ठ फुडारी शरद/चंद्र पवार हांणी राज्यसभेच्या सदस्यपदाची सोपुत घेतली. हे दोनुय फुडारी महाराष्ट्रातल्यान राज्यसभेचेर परत वेचून आयले . डॉ. ज्योती नाग/नाथ वाघमारे आणि राम/राव सखाराम वाड/कुटे हाणीय सोपुत घेतलो. मजगती ख्रिस्तोफर मणि/कम, एल. के. सुधीश, डॉ. अंबु/मणी रामदास आणि तिरुची शिवा हांचे सयत तामिळनाडूतल्या स सदस्यांनीय राज्यसभेचो सोपुत घेतलो. पश्चिम बंगालात बाबुल सुप्रिया बराल, रुक्मिणी मल्लिक, डॉ. मेनका गुरु/स्वामी आणि राजीव कुमार हाणीय सोपुत घेतलो .

याशिवाय, संस्कृत मिश्रा, मनमोहन सामल आणि दिलीप कुमार राय यांच्यासयत ओडिशातल्या तीन सदस्यानीय सोपुत घेतलो.

PM ASSAM

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सेगीत तिसरे खेपे भाजपा आसामांत सरकार घडोवन हाडटलो असो विस्वास उक्तायला. काल आसामाच्या बारपेटात वेंचणुकेच्या रॅलीक मार्गदर्शन करतना ताणी सांगलें byte

ENERGY

भारतान आपल्या अणुऊर्जा कार्यक्रमात एक महत्त्वाचो पावंडो गाठला , कारण तामिळनाडूतल्या कल्प/क्कम हांगा स्वदेशी बनावटीच्या प्रोटोटाइप फास्ट ब्रीडर रिएक्टर(PFBR) न क्रिटिकॅलिटी गाठल्या. ५०० मेगावॅट विदयुत क्षमतेच्या ह्या PFBR चे संचालन भारतीय नाभिकीय विद्युत निगम लिमिटेड (भाविनी) करता. हो भारताच्या दीर्घकालीन अणुऊर्जा धोरणाचो एक महत्वाचो घटक आसा. पुरायपणान कार्यान्वित जातकच व्यावसायिक फास्ट ब्रीडर रिएक्टर आशिल्लो भारत हो रशिये उपरांत दुसरो देश थारतलो. प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदीनी या इतिहासिक कामगिरीचे कौतुक केला. काल राती एका सोशल मीडिया पोस्टात मोदीनी म्हणला की, भारत आपल्या नागरी अणुऊर्जा प्रवासात एक निर्णायक पावल घालता आणि देशाच्या तीन-टप्प्यांच्या अणुऊर्जा कार्यक्रमाचो दुसरो पावंडो मुखार व्हरता.

ARMED

भारतीय लष्करान नवी दिल्लीत (Unmanned Aerial System) म्हणलयार मानव रहित हवाई प्रणाली आणि (Loitering Munitions) खातीर एक तंत्रज्ञान आराखडो सादर केला मानव रहित हवाई प्रणालीच्या क्षेत्रात भारतीय लष्कराच्या गरजांविषयी दीर्घकालीन स्पष्टता- प्रदान करपाच्या दिशेन हे एक महत्त्वपूर्ण पावल आसा.

भारतीय लष्करान म्हणला की, हो आराखडो उद्देग, शिक्षण संस्था आणि संशोधन आनी विकास संस्थांक, लष्करान दिल्या प्राधान्य क्षेत्रांकडे गुंतवणूक आणि तांत्रिक प्रयत्नांक दिशा दिवपाक एक स्पष्ट आणि कृतीयोग्य दिशा प्रदान करता

ELETIONS

आसाम, केरळम आणि केंद्रशासित प्रदेश पुदुचेरीतल्या विधानसभा वेचणुकांचो प्रचार आज सांजे सोपता. आजच्या निमण्या वरांत वेगवेगळ्या राजकीय पक्षांचे मुखेल फुडारी या प्रदेशांतल्या मतदारांकडे संपर्क साधपाक आणि आपलो तेंको घटपुट करपाक नेटाचो प्रयत्न करतले. आसामात एकशे सव्वीस , केरळ मात एकशेचाळीस आणि पुदुचेरीत ३० सुवातां खातीर ब्रेस्तारा एकाच पावंड्यार मतदान जातले. काल, भाजपचे ज्येष्ठ फुडारी आणि प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी हाणी आसामातल्या बारपेटा, होजाई आणि दिब्रुगड हंगा जाहीर सभा घेतल्यो. आसामात भाजप सलग तिसरे फावट सरकार स्थापन करतलो असो विश्वास मोदींनी व्यक्त केलो. काँग्रेसीनूय राज्यात आपलो प्रचार खर केला. काल गुवाहाटीत पत्रकार परिषदेत उलयताना, पक्षाची ज्येष्ठ फुडारी कुमारी सेलजा हांणी म्हणाले की, काँग्रेस सगळ्याक न्याय आणि समान हक्कां खातीर उभी आसा. काल पुदुचेरीत प्रचाराची नेटान हालचाल दिसून आयली, जंय प्रमुख फुडारयांनी राज्यभरात रॅली, जाहीर सभा आणि रोड शो आयोजित केले. मजगती तामिळनाडूत पयल्या पावंड्या वेले मतदान आणि पश्चिम बंगालात पयल्या पावंड्यावेल्या मतदाना खातीर आज उमेदवारी अर्जांची छाननी जातली. उमेदवारी अर्ज दाखल करपाची प्रक्रिया काल सोपली, उमेदवार ब्रेस्तार मेरेन आपली नावां फाटी घेऊक शकतात. चारुय राज्यां आणि केंद्रशासित प्रदेशातली मतमेजणी फुडल्या महिन्याच्या ४ तारखेक जातली.

राजनाथ 60

देशांतल्या सैनिकांक बरी भलायकी सुविधा दिवप हें सरकाराचें मुखेल प्राधान्य आसा अशें संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग हाणी म्हळा.

सैनिक प्रतिकूल हवामान परिस्थितींत राष्ट्राची सेवा करतात अशें तांणी सांगलें. नवी दिल्लींत लश्करी वैजकी पथकाच्या स्थपणूक दिसा निमतान ते उलयतले bytes १९ Sec

वैजकी दळाचो फाटीचो कणो आशिल्ल्या लश्करी नर्सिंग सेवेच्या नर्सींक निवृत्ती उपरांत माजी सैनिकांचो दर्जो दिवपाचो निर्णय सरकारान घेतला अशें तांणी सांगलें.

GAS

पश्चिम आशियातल्या संघर्षाच्या फाट भुंयेर देशात अन्नधान्याचो फाव तितलो साठो आसा अशे आश्वासन सरकारान दिले. नवी दिल्लीत पश्चिम आशियातल्या ताज्या घडामोडींवेल्या आंतर-मंत्रालयीन बसकेत उलयताना, गिरायक वेव्हार विभागाचे अतिरिक्त सचिव अनुपम मिश्रा हाणी म्हणले की, जीवनावश्यक वस्तूंच्या किमतींज सदचे प्रमाण अस्थिरता ना. तानी म्हणले की, देशात डाळींचे उत्पादन फाटल्या वरसा परस चड आसा. मिश्रा हांणी म्हणले की, सरकार वस्तूंच्या किमती आणि पुरवठ्याचेर लक्ष दवरून आसा. बंदर, जहाजबांधणी आणि जलमार्ग मंत्रालयाचे अतिरिक्त सचिव, मुकेश मंगल हाणी म्हणाले की, एलपीजी घेऊन वचपी 'ग्रीन संघवी' आणि 'ग्रीन आशा' ह्यो दोन भारतीय ध्वज आशिल्या जहाजांनी फाटल्या दोन दिसांत होर्मुझच्या सामुद्रधुनीतल्यान सुरक्षितपणान प्रवास केला. मंगल हांनी माहिती दिली की, सध्या पश्चिम पर्शियन आखाताच्या प्रदेशात १६ भारतीय ध्वज आशिल्ली जहाजा आसता ताचेर चारशे तेततिस भारतीय खलाशी आसात.

RADHAKRISHNAN

राज्यसभा अध्यक्ष सी. पी. राधाकृष्णन आणि लोकसभा अध्यक्ष ओम बिरला हांणी मुख्य वेचणूक आयुक्त ज्ञानेश कुमार हांचेवेल्या महाभियोग प्रस्तावाची नोटीस फेटाळली. राज्यसभा अध्यक्ष सी. पी. राधाकृष्णन आणि लोकसभा अध्यक्ष ओम बिरला यांनी मुख्य वेचणूक आयुक्त ज्ञानेश कुमार हांका पदावेल्यान हटोवपाक विरोधी सदस्यांनी हाडलेली प्रस्तावाची नोटीस फेटाळल्या.

राज्यसभा सचिवालय आणि लोकसभा सचिवालयान स्वतंत्र पत्रां वरवी कळयला की, प्रस्तावाच्या नोटीसीचेर योग्य विचारविनिमय केल्या उपरांत आणि तातुंत गुंतलेल्या सगळ्या संबंधित बाबी आनी मुद्द्यांचे जतनायेन आणि वस्तुनिष्ठ मूल्यांकन केल्या उपरांत राज्यसभा अध्यक्ष आणि लोकसभा अध्यक्षांनी प्रस्तावाची नोटीस स्वीकारपाक नकार दिला . पयलेच फावट विरोधी पक्षान पक्षपाती वृत्तीचो आरोप करत ज्ञानेश कुमार हांका पदा वेल्यान हटोवपाचो प्रस्ताव मांडपाक लोकसभा आणि राज्यसभा या दोन्ही सभागृहांमदी नोटीस सादर केली

IMD

भारतीय हवामान खात्यानं  दिल्ली, पंजाब, हरियाणा, चंदीगड, हिमाचल प्रदेश, राजस्थान, उत्तराखंड आणि पश्चिम उत्तर प्रदेशशात गडगड आनी  वादळाचो अदमास उक्तायला

SPORTS

आयपीएल क्रिकेटीत राजस्थान रॉयल्स आणि मुंबई इंडियन्स या मदलो खेळ गुवाहाटी हांगा बरसापारा क्रिकेट स्टेडियमाचेर सांजे  ७:३० क जातलो. राजस्थान रॉयल्स सध्या गुण/तालिकेत तिसऱ्या स्थानार आसा तर मुंबई इंडियन्स सव्या सुवातेर आसा. रॉयल चॅलेंजर्स बंगळूर दुसऱ्या आसा. मजगती, काल राती कोलकाता हांगा ईडन गार्डन्सात कोलकाता नाइट रायडर्स आणि पंजाब किंग्स मदलो खेळ पावसाक लागुन रद्द केलो

- उपराष्ट्रपती आणि राज्यसभा अध्यक्ष सी. पी. राधाकृष्णन यांनी राज्यसभेच्या १९ नवनिर्वाचित सदस्यांक सोपुत दिलो.
- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सेगीत तिसरे खेपे भाजपा आसामांत सरकार घडोवन हाडटलो असो विस्वास उक्तायला
- भारतीय लष्करान नवी दिल्लीत मानव रहित हवाई प्रणाली (Unmanned Aerial System) आणि लोइटरिंग म्युनिशन्स (Loitering Munitions) खातीर एक तंत्रज्ञान आराखडो सादर केला

- आसाम, केरळम आणि केंद्रशासित प्रदेश पुदुचेरीतल्या विधानसभा वेचणुकांचो प्रचार आज सांजे सोपता.
- आयपीएल क्रिकेटीत राजस्थान रॉयल्स आणि मुंबई इंडियन्स या मदलो खेळ गुवाहाटी हांगा बरसापारा क्रिकेट स्टेडियमाचेर सांजे ७:३० क जातलो.